आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

Panaji National

15 June 2026 6:30 pm

136 मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांचे स्लोव्हाक समकक्ष रॉबर्ट फिको हांणी आयज ब्रातिस्लावा हांगा प्रतिनिधी मंडळ पांवडयाचेर उलोवणी केली. उलवणेउपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना भारत आनी स्लोव्हाकिया या दोनुय देशांमदलो संबंद घटमुट करून भागीदारीचो दर्जो वाडोवपाचो निर्णय घेतला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. दोनूय राश्ट्रां मदलो संरक्षण सहकार हो परस्पर विस्वास आनी रणनितीच्या अभिसरणाची गवाय आसा, अशे ताणी फुडे म्हणला. एआयचो फुडार फकत नवनिर्माणाचेर न्हय, तर विस्वास, जापसालदारकी, आनी मनशाच्या स्वाभिमानाचेर आदारीत आसूंक जाय. डिजिटल तंत्रगिन्यानाचेर आयज केल्ल्या समजिकायेच्या कबलाती वरवीं दोन देशां मदीं सहकार्याचे नवे मार्ग उक्ते जातले अशें पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.

ह्या संदर्भार उलयतना स्लोव्हाकियाचो प्रधानमंत्री रॉबर्ट फिको हांणी भारताची नेटान अर्थीक वाड, डिजिटल रुपांतर आनी कृत्रीम बुध्दीमत्तेंतल्या प्रगतीची तोखणाय करून देशान मुखेल क्षेत्रांनी जायत्या प्रगत राश्ट्रांक फाटीं सरला अशें म्हणलें, भारताक संयुक्त राष्ट्रांच्या सुरक्षा मंडळांत कायम वांगडी म्हूण आस्पाव करचो पडटलो.

96 G7

फ्रांसाच्या इव्हियन शारांत आयज सावंन 52वी जी-7 शिखर सभेची सुरवात जाता. ही बसका एक म्हत्वाची आनी सकारात्मक घडणूक घडोवन हाडटा: अमेरिका आनी इराण हांणी आपलो 107 दिसांचो संघर्श सोंपवपाची कबलात केल्या आनी होर्मुझ सामुद्रधुनी परतून उक्ती केल्या. जी-7 राश्ट्रांच्या फुडाऱ्यांनी-फ्रांस, युनायटेड किंगडम, जर्मनी आनी इटली हांचो आस्पाव करून हे घडणुकेक येवकार दिला. फ्रांस, ब्रिटन, जर्मनी आनी इटली ह्या देशांच्या फुडाऱ्यांनी संयुक्त निवेदनांत कसलीच अटी वा निर्बंध नासतना मुक्त दर्यावेल्यान येरादारी करपाक मेळची म्हूण होर्मुझ सामुद्रधुनी रोखडीच परतून उक्ती करपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो.
ह्या शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां इव्हियनांत पावतले.

नायडू 65

उत्तर प्रदेशांतल्या जेवर हांगाच्या नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळार आयज वेपारी विमान येरादारी सुरू जाली. नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाक लागून भारताची विमान क्षेत्रातली मुळावी बांदावळ घटमूट जातली आनी प्रादेशिक तशेंच संवसारीक जोडणी वाडटली अशी अपेक्षा आसा अशें उक्तावण सुवाळयान उलेताना केंद्रीय नागरी विमनन मंत्री के राममोहन नायडू हाणी सांगलें.

54 जितेंद्र सिंग

फाटल्या 12 वर्सांत विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान भारताच्या उदरगत प्रवासाचे मुखेल चालक म्हणून उदेलां अशें केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हाणी सांगले. 'भारताच्या सेवेंत विज्ञानाचीं 12 वर्सां' ह्या विशयाचेर नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. विज्ञ तंत्रगीन्यान क्षेत्रा भितर उद्देगीक सहभाग वाडोवप, नवनिर्माण, आनी भौशीक-खाजगी भागीदारी वाडोवपाचे दिकेन केल्ल्या स्थलांतराचेर तांणी भर दिलो.

खेळ

मेक्सिकोच्या मॉन्टेरी स्टेडियमांत आयज जाल्ल्या फिफा विश्वचषक 2026 'ग्रुप एफ' खेळा सरतींत स्विडनान ट्युनिशियाचेर 5-1 अशी मात केली. आयज दुसऱ्या सरतींत स्पेनाचो केप व्हर्दे पंगडा आड अमेरिकेंतल्या ॲटलांटा स्टेडियमाचेर 'ग्रुप H' सरतींत सामनो जातलो. हो सामनो भारतीय मानक वेळा प्रमाण रातच्या 9:30 वरांचेर सुरू जावपाचो आसा.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशाचेर आयज गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय आसून  पावसा खातीरचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेच छत्तीसगढ, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, ओडिशा, राजस्थान, तमिळनाडू आनी पुडुचेरी या राज्यांनी  वीज आनी वादळी वाऱ्यासंयत गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला. वायव्य भारताचेर चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 4 ते 6 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.

आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंटाचेर.